# पारंपारिक नुस्तेमारांक नुस्ते सुकोवपाक माची दिवपाची येवजण

ता. 19 ऑगस्ट 2021

नुस्तेमारी वेवसाय खात्यावतीन पारंपारिक नुस्तेमारांक नुस्ते सुकोवपाक कोलवा हांगा खात्याची माची (प्लॅटफॉर्म) भाड्यान दिवपाच्या येवजणेची अंमलबजावणी करपात येता.

पारंपारिक नुस्तेमारांक नुस्ते सुकोवपाक एका प्लॅटफॉर्माखातीर वर्साक रू. 3,000/- भाडे आकारतात. अर्जदारान सुरक्षा रक्कम म्हुण एका प्लॅटफॉर्माक एक हजार रूपया भरपाक जाय. नुस्ते सुकोवपाचे वट्ट 30 प्लॅटफॉर्म आसा.

ह्या येवजणेचो लाव घेवपाक इत्सुक आशिल्ल्या नुस्तेमारांनी उपकार्यालय, नुस्तेमारी प्रकल्प, कोलवा, कुटबण जेटी आनी पणजेच्या मुख्यालयांत उपलब्ध आशिल्ले अर्ज भरून ता. 3 सप्टेंबर 2021 मेरेन सुपूर्द करपाक जाय.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/708

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji